# पारंपारिक लोककला प्रकारांचे जतन करपाचो राज्यपालांचो उलो

ता. 14 फेब्रूवारी 2018

25 माघ 1939

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी पारंपारिक लोककला प्रकारांचे जतन करपाची गरज व्यक्त करून पारंपारिक लोककला विशेश प्रदेशाच्या समृध्द संस्कृतीची वळख आसता आनी त्या खातीर खास करून युवा पिढीन अशा लोककला प्रकारांचे फुडल्या पिळगेखातीर जतन करपाक म्हत्वाची भुमिका निभावपाक जाय, अशें सांगले.

राज्यपाल आयज गोंय विद्यापिठात कोंकणी विभाग आनी बाकीबाब बोरकर अध्यासन अतिथी संशोधक प्रोफेसर उपक्रमाखाला आयोजीत 'लोकरंग' ह्या लोकसंगीत आनी नृत्य महोत्सवाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतल्यो.

राज्यपालान फुडें म्हटले, सगळे पारंपारिक कला, संगीत प्रकार हे आमच्या भारतीय संस्कृतीचो भाग आसा, असो महोत्सव आयोजीत केल्लेखातीर राज्यपालान विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागाचे अभिनंदन केले आनी अशां महोत्सवानी युवा पिळगी सक्रियपणान सहभागी जाता ते पळोवन खुशालकाय जाता, अशें म्हटले.

ह्या महोत्सवात विद्यार्थी लोकनाच आनी संगीताचे कार्यक्रम सादर करतले. तशेंच पारंपारिक वस्तूंचे प्रदर्शन आयोजीत केला. गोंयच्या लोककलेक प्रोत्साहन दिवपाच्या विशयाचेर चर्चाय जातली.

महोत्सवाच्या उक्तावण कार्यक्रमाक गोंय विद्यापीठाचे उपकुलगूरू प्रो. वरूण साहनी, रजिस्ट्रार श्री. व्हाय. व्ही. रेड्डी, कोंकणी विभाग प्रमूख डॉ. प्रकाश पर्येकर, परीक्षा निमंत्रक डॉ. अनुराधा वागळे आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. व्याख्याती वृपाली नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले तर कार्यक्रम समन्वयक प्रो. रामराव वाघ हांणी निमणे उपकार मानले.